Panaji National 9th April 2025 8.40am

वक्फ दुरुस्ती विधेयक 2025 संसदेन संमत जावप हें समाजीक न्यायाच्या दिकेन म्हत्वाचें पावल अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हळां.

मनरिजवण हो संवसारांतल्या व्हड उद्देगा पैकी एक आसून येतं त्या काळांतय ताचो विस्तार जायत जातलो अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां.

पोर्तुगालच्या यशस्वी भोंवडे उपरांत  राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आज सकाळी स्लोवाकियाची राजधानी ब्रातिस्लावा शारांत पावल्यो.

रिझर्व्ह बॅंकेच्या चलन धोरण समितीची बसका आयज मुखेल धोरणात्मक निर्णय जाही र जाले उपरांत सोंपतली.

अमेरिकेंत चीनी वस्तूच्या आयातिचेर आयच्यान104 टक्के शुल्क  लागू जातलें.

आयपीएल टी-20 क्रिकेट सर्तींत आयज सांजवेळा अहमदाबादच्या नरेंद्र मोदी स्टेडियमांत गुजरात टायटन्स  राजस्थान रॉयल्स आड खेळटलो.

PM Summit – 125

वक्फ दुरुस्ती विधेयक 2025 संसदेन संमत जावप हें समाजीक न्यायाच्या दिकेन म्हत्वाचें पावल अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हळां. मुस्लिमां संयत सगळ्या समुदायांच्या हिताखातीर एक उल्लेखनीय कायदो केल्ल्या खातीर संसदेक परबीं दितना प्रधानमंत्र्यांनी सांगलें, आतां वक्फाच्या  पवित्र भावनेचे रक्षण जातले  आनी वंचित वर्ग, बायलां आनी भुरग्यांचे हक्क सुरक्षीत उरतले. प्रधानमंत्री काल रातीं नवी दिल्लींत खाजगी मिडिया हाऊसान आयोजीत केल्ल्या कार्यावळीत उलयताले.

भारत बेगीन संवसारांतली तिसरी व्हड अर्थवेवस्था जावपाची आसा अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. खाजगी मिडिया हाऊसान आयोजीत केल्ल्या कार्यावळीत ते उलयताले. हो अभूतपूर्व विकास देशांतल्या तरणाट्यांक लागून

जाता अशें मोदी हांणी सांगलें. संवसारीक आव्हानां आसून लेगीत भारत नेटान मुखार सरलो आनी फकत एका दशकांत आपल्या अर्थवेवस्थेचो आकार दोबराद केलो अशें मोदी हांणी सांगलें. भारत ल्हवू ल्हवू आनी स्थीरपणान मुखार वतलो अशें ज्या लोकांक दिसताले, ते आतां वेगान आनी निर्भय भारत पळयतात अशें प्रधानमंत्र्यांनी सांगलें. संवसार भारता कडेन आशेन पळयता अशें प्रधानमंत्र्यांनी मुखार म्हळें. 2025 वर्साच्या पयल्या शंबर दिसांनी सरकारान फकत निर्णयुच घेव ना तर फुडारा खातीर घटमूट बुन्याद घाल्या अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें. ह्या शंबर दिसांनी, उपग्रहांचे डॉकिंग आणि अनडॉकिंग करपाची तांक साध्य करपी भारत संवसारांतलो चवथो देश जालो अशें तांणी सांगलें.

PM Waves – 50

मनरिजवण हो संवसारांतल्या व्हड उद्देगा पैकी एक आसून येतं त्या काळांतय ताचो विस्तार जायत जातलो अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. खाजगी खबरां चॅनलान आयोजीत केल्ल्या कार्यावळीक संबोधन करतना मोदी हांणी सांगलें की कला आनी संस्कृतायेक प्रोत्साहन दिवपा खातीर भारत सरकार फुडल्या म्हयन्यांत मुंबयंत संवसारीक ऑडियो व्हिज्युअल आनी मनरिजवण शिखर परिशद,WAVES घडोवन हाडटा.

Prez Portugal – 100

पोर्तुगालच्या यशस्वी भोंवडे उपरांत राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आज सकाळी स्लोवाकियाची राजधानी ब्रातिस्लावा शारांत पावल्यो.

परराश्ट्र मंत्रालयाचे सचीव (अस्तंत) तनमय लाल हांणी काल प्रसार माध्यमांक राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांच्या यशस्वी पोर्तुगाल भेटी विशीं म्हायती दिली. भारत आनी पोर्तुगाल हांचे मदले लागींचे संबंदय भारत-युरोपीय संघटनेचे भागीदारींत म्हत्वाचें योगदान दितात अशें सचीव तनमय लाल हांणी म्हळें. भारत आनी पोर्तुगाल ह्या दोनूय देशां मदीं राजनयिक सबंधांच्या पुनर्स्थापनेक 50 वर्सां पुराय जाल्ल्यान ही भेट खासा म्हत्वाची आसा. हे भेटी वेळार पुर्तुगालाचो प्रधानमंत्री Luis Montenegro हांचे बरोबर राष्ट्रपतींची फलदायी बसका जाली. दोनूय फुडाऱ्यांनी द्विपक्षीय आनी आंतरराष्ट्रीय मुद्द्याचेर सविस्तर चर्चा केली. वेगवेगळ्या क्षेत्रांत परस्पर सहकार वाडोवपाचें म्हत्वचेर तांणी भर दिलो.

राष्ट्रपती आनी प्रधानमंत्री Montenegro हांचेमदल्या उंचेल्या पांवड्यावेल्या उलोवपा वांगडाच वेगवेगळ्या पांवड्यार द्विपक्षीय चर्चा जाली.

WAQF- NOTIFICATION - 70

वक्फ (दुरुस्ती) कायदो, 2025 कालच्यान लागू जाला. राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी ह्या विधेयकाक मान्यताय दिल्या उपरांत सरकारान हे विशीं अधिसुचोवणी जारी केल्या. फाटल्या सप्तकांत संसदेच्या दोनूय सभाघरांनी हो कायदो संमत केल्लो. नव्या कायद्याचो हेतू वक्फ मालमत्तेचें वेवस्थापन सुलभ करपाचो आसा, तातूंत दायज थळांचे संरक्षण करपाची आनी समाजीक कल्याणाक चालना दिवपाची तरतूद आसा. तशेंच मालमत्ता वेवस्थापनांत पारदर्शकता वाडोवप, वक्फ मंडळां आनी थळाव्या अधिकाऱ्यां मदीं समन्वय सुगम करप, आनी भागधारकांचो हक्क राखपाचो हेतू आसा.

Vaishnaw AI – 100

एआय ही नवी उद्देगीक क्रांती आशिल्ल्याची बाबा इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रज्ञान मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी अधोरेखित केली. तांणी भागधारकांक डिजिटल सार्वजनिक पायाभूत सुविधां कडेन एआय एकत्रित करपाखातीर कल्पना सामायिक करपाचे आवाहन केले. दिल्लीत भारतीय विशिष्ट ओळख प्राधिकरण (UIDAI) न भागधारका बरोबर आयोजित केल्ल्या एका दिसाच्या बेसकेचे उक्तावण वैष्णव हाणी केले. त्या वेळार ते उलयताले. आधार हो जायत्या उपक्रमांचो 'आधार' आसा अशे वैष्णव हाणी म्हळें. सुमार 750 वरिश्ठ धोरण निर्माते, तज्ञ, तंत्रज्ञ, क्षेत्रीय फुडारी, आनी वेवसायीक 'आधार संवाद' खातीर एकठांय आयले.
ह्या वेळार प्राधिकरणान सुरक्षीत डिजिटल प्रमाणीकरण आनी QR-आधारित डेटा शेअरिंगखातीर नवो आधार अॅप लाँच केलो.

Shivraj visit – 70

केंद्रीय शेती आनी शेतकार कल्याण आनी ग्रामीण उदरगत मंत्री शिवराज सिंग चौहान आज नेपाळांत जावपी तिसरे बिमस्टेक शेती मंत्री बसकेंत वांटो घेतले. चौहान नेपाळाचे प्रधानमंत्री के पी शर्मा ओली आनी शेतकी आनी पशुधन उदरगत मंत्री रामनाथ अधिकारी हांकां मेळटले अशी म्हायती शेती मंत्रालयान

निवेदनांत दिल्या. ताच्या भेटी वेळार शेती मळार सहकार्या विशीं दोनूय देशा मदीं समजिकायेच्या कबलातींचेर सयो जातल्यो. तशेंच मंत्री भूतानचे शेती आनी पशुधन मंत्री हांचे बरोबर द्विपक्षीय बसका घेतले.

रिझर्व्ह बँके 60

रिझर्व्ह बँकेच्या चलन धोरण समितीची बसका आयज मुखेल धोरणात्मक निर्णय जाही र जाले उपरांत सोंपतली. मुखेल धोरण दरांचेर विचार करपा खातीर चलन धोरण समिती ची बसका 7 एप्रीलाक सुरू जाली.आरबीआयचे गव्हर्नर संजय मल्होत्रा रेपो दरावांगडाच अर्थीक वाड अदमास, चलनवाड, गिरायक दर निर्देशांक चलनवाड आनी एकूण देशांत ल्या उत्पादन वाडीच्या दराच्या अदमासा विशींय म्हायती दितले. आर बी आय गव्हर्नर पत्रकार परिशदेकय संबोधीत करतले.

धांवड्यांनी हारयलो.

US China tariffs – 85

अमेरिकेंत चीनी वस्तूच्या आयातिचेर आयच्यान104 टक्के शुल्क लागू जातलें. ही घोशणा अमेरिकेच्या राष्ट्राध्यक्षांचे कार्यालय व्हाइट हाऊसाची प्रेस सचीव कॅरोलीन लेविट हांणी केल्या. चीनी मालाचेर हो शुल्क राष्ट्राध्यक्ष ट्रम्प हांच्या दुसऱ्या कार्यकाळा पयलीं घाल्ल्या शुल्काच्या अतिरिक्त आसतलो. राष्ट्राध्यक्ष ट्रम्प हांणी चीनाचेर प्रत्युत्तरात्मक दर पॅकेजीचो एक भाग म्हूण 34 टक्के शुल्क लायिल्लें, पूण अमेरिकेच्या वस्तूंचेर 34 टक्के प्रत्युत्तरात्मक शुल्क लावपाच्या निर्णयांतल्यान चीन मंगळारा मेरेन फाटीं सरूंक नाशिल्ल्यान राष्ट्राध्यक्ष ट्रम्प हांणी चीनाचेर आनीक 50 टक्क्यांनी दर वाडयलो. अशे तरेन चीनी वस्तूंचेर 84 टक्के अतिरिक्त शुल्क लागू जातलें.

IPL – 80

आयपीएल टी-20 क्रिकेट सर्तींत आयज सांजवेळा अहमदाबादच्या नरेंद्र मोदी स्टेडियमांत गुजरात टायटन्स राजस्थान रॉयल्स आड खेळटलो. सांजवेळा 7.30 वरांचेर मॅच सुरू जातली.

काल रातीं चंडीगढांत जाल्ले मॅचींत पंजाब किंग्सान चेन्नई सुपर किंग्साक 18 धांवड्यांनी हारयलो. पयली फलंदाजी करपी पंजाब किंग्सान निर्धारित 20

ओव्हरींनी 6 विकेटीं वगडावन  219 धांवड्यो केल्यो. ताका जाप दितना चेन्नय सुपर किंग्साक 20 ओव्हरींनी 5 गडे बाद फक्त 201 धांवड्यो करप शक्य जाल्यो.

काल दुसरे मॅचींत लखनौ सुपर जायंटांनी कोलकाताच्या ईडन गार्डन्सांत यजमान कोलकाता नाइट रायडर्साक चार

NHRC Jail – 140

देशभरांतल्या बंदखणींनी बायल मनीस कैदि आनी तांच्या भुरग्यां सयत कैद्यांक जावपी वेगवेगळ्या अडचणींचो राष्ट्रीय मानवाधिकार आयोगाने स्वतःहून दखल घेतल्या. तातूंत बंदखणींत गर्दी, मुळाव्या सुविधांचो उणाव आनी भलायकी सुविधांचो उणाव हांचो आस्पाव जाता. हे संबंदी आयोगान सगल्या राज्यांच्या आनी केंद्र शासित प्रदेशांच्या मुखेल सचीवांक चार सप्तकां भितर सविस्तर अहवाल सादर करपाची नोटीस जारी केल्या.